**भारतीय लश्करात महिलांच्या भरतीखातीर रॅली**

ता. २५ जून 2021

सैनिक कल्याण विभागान भारतीय सैन्यात 100 महिला सैनिक पुलीसांच्या (जनरल ड्युटी) भरतीखातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.
ह्याखातीर ऑनलाईन नोंदणी अनिवार्य आसून 06 जून 2021 ते 20 जुलय 2021 ह्या काळांत नोंदणी चालू आसतली.

रॅलीची प्रवेश पत्रां नोंदणीकृत ई-मेलावरवी धाडपात येतली. प्रवेश पत्रात नमूद केल्ले प्रमाण उमेदवारांनी दिल्ल्या तारखेक आनी वेळार रॅलीच्या थळार हजर रावपाक जाय. भरती रॅली अंबाला, लखनऊ, जबलपूर, बेळगांव, पुणे आनी शिलांग हांगा घेवपाचे थारायला. उमेदवारांक तांच्या मूळ जिल्हयां लागीचे थळ दिवपात येतले. भरती रॅलीचे अंतिम स्थान आनी तारीख प्रवेश कार्डाचेर दिवपात येतली. www.joinindianarmy.nic.in ह्या संकेतस्थळाचेर सविस्तर म्हायती उपलब्ध आसा.

चड माहिती खातीर इत्सुक उमेदवारांनी सचिव, सैनिक कल्याण विभाग, जिल्हाधिकारी कार्यालय इमारत, पणजी-गोंय फोन नं. 0832 - 2227138 चेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/5--

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji